# गोंय राज्य पत्रकार पुरस्कार जाहिर

ता. 13 नाव्हेंबर 2017
22 कार्तिक 1939

म्हायती आनी प्रसिध्दी खात्याच्या गोंय राज्य पत्रकार पुरस्कार येवजणेखाला पुरस्कार जाहिर जाल्यात आनी हे पुरस्कार राष्ट्रीय पत्रकारिता दीसा 16 नोव्हेंबर दीसा भेटयतले.

राष्ट्रीय एकात्मता आनी सामाजिक सलोखो-उत्कृश्ट संपादक श्री. परेश प्रभू हांका विशवल्लीची मूळे ह्या संपादकीय वृत्ताखातीर फावो जाला. ग्रामीण पत्रकारितीखातीरचो पुरस्कार प्रुडंट मिडियाचे श्री. विवेक प्रभू हांका आंबे-धुलैय गावच्या समस्यावयल्या प्रसारणाखातीर आनी भौशीक भलायकी आनी नितळसाण पत्रकारितेखातीर गोमंतक टाईम्सचे संपादक श्री. शाश्वत गुप्ता हांका पुरस्कार फावो जाला. बायला आनी भुरग्यांसबंदीत प्रस्नावयल्या पत्रकारितेखातीर प्रुडंटाचे श्री. श्यामसुंदर फडते हांच्या कुंग फू गर्ल ह्या प्रसारणाक फावो जाला.

खेळां पत्रकारितेत टाईम्स ऑफ इंडियाचे श्री. अँथनी मार्कुस मेर्गुल्हो हांका पुरस्कार फावो जाला. कला आनी सांस्कृतिक पत्रकारितेखातीर गोमंतक टाईम्साचे संपादक श्री. शाश्वत गुप्ता हांका पुरस्कार फावो जाला. फोटो पत्रकारितेखातीर लोकमताचे श्री. गणेश शेटकर हांच्या दर्यादेर व्हिलचेरावयल्या दिव्यांग पर्यटकांच्या छायाचित्राखातीर फावो जाला.

श्री. गुरूदास सावळ हांच्या अध्यक्षतेखाला प्रमोद खांडेपारकर, सतीश नाईक, विली गोयश आनी गुरूनाथ पै हे वांगडी आनी जॉन आगियार वांगडी सचिव आशिल्ल्या समितीन पुरस्काराखातीर निवड केल्या.